**प्रसार भारती कडल्यान फुकट डीटीएच डिश सेवा**
**देशभर माहिती, शिक्षण, मनोरंजन कार्यक्रमांचे प्रसारण**

ता. 6 ऑगस्ट 2024

प्रसार भारती DD फ्री डिश नावान भारतात सगळ्यांत व्हड आनी एकमेव फुकट डायरेक्ट-टू-होम (DTH) प्लॅटफॉर्म चलयता. सध्या डीडी फ्री डिश 381 टीव्ही चॅनेल आनी 48 रेडिओ चॅनेल फुकट दिता आनी देशभरांतल्या सुमार 5 कोटी परस चड घरांनी हे चॅनेल पळयतात.

प्रसार भारतीच्या डीडी फ्री डिश चॅनेल सेवांखातीर दर्शकांकडल्यान कसलेच मासिक शुल्क आकारपात येना, तांची सेवा आयुष्यभर विनामूल्य आसा. डीडी फ्री डिश सेट-टॉप-बॉक्स आनी एक ल्हान आकाराचो डिश अँटेना विकतो घेवपा खातीर फकत एक वेळ 1500/- रूपया फारीक करचे पडटा आनी ते सगळीं कडेन सहज उपलब्ध आसा.

डीडी फ्री डिश हो सगळ्यात व्हड डीटीएच प्लॅटफॉर्म आसा आनी तो ग्रामीण तशेंच सीमावर्ती वाठारांत लेगीत उपलब्ध आसा. डीडी फ्री डिशच्या माध्यमातल्यान प्रसार भारती देशाच्या कोनशाकोनशांनी माहिती, शिक्षण आनी मनोरंजनाचे कार्यक्रम पावयता. समाजातल्या गरीब घटकांक ह्या सेवेचो बरो फायदो जाता. डीडी फ्री डिश सेवा तांच्या सक्षमीकरणाचे साधन जाला.

डीडी फ्री डिश सेवेत शिक्षणीक चॅनेल, मनोरंजन, बातम्यो, भक्ती, चित्रपट, खेळ आनी हेर लोकप्रिय खाजगी टीव्ही चॅनेलासयत दूरदर्शन चॅनेल आसा. 'डीडी स्वयं प्रभा', 'डीडी पीएम ईविद्या' आनी 'डीडी डिजीशाला' सारख्या शिक्षणीक चॅनेलांचो तातूंत आसपाव आसा. ह्या चॅनलांच्या माध्यमातल्यान शिक्षक, विद्यार्थी आनी नागरिकांक कला, विज्ञान, वाणिज्य, कला, सामाजशास्त्र, अभियांत्रिकी, तंत्रज्ञान, कायदो, वैजकी, कृशी अशां विंगड विंगड विशयांचे ज्ञान मेळटा. शिक्षणीक अभ्यासक्रमांची सामग्री NCERT, CIET, IITs आनी UGC वतीन दितात.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/371

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.